**राज्यपालाकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं**

ता. 4 सप्टेंबर 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी शिक्षक दिसानिमतान शिक्षक वर्गाक मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, समाजात शिक्षकांच्या योगदानाची दखल घेवपा खातीर प्रत्येक वर्सा देशात 5 सप्टेंबराक हो दीस मनोवपात येता. भारताचे दुसरें राष्ट्रपती आनी पयले उपराष्ट्रपती डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या जयंती दिसा हो दीस मनयतात. एक म्हान शिक्षक तशेंच तत्वज्ञानी, शिक्षणतज्ञ आनी तळमळ आशिल्लें मानवतावादी म्हूण ते समस्त शिक्षक वर्गाक प्रेरणा जावन आसात.

आमच्या पुरातन परंपरेत बुद्‌दीमत्ता ही शिक्षकाची दुसरी वळख आसा. शिक्षकी पेशा हो उदात्त पेशा जावन आसा आनी आमच्या समाजात परंपरेन शिक्षकांक उच्च आदर आनी मानसन्मान आसा. शिक्षण म्हळ्यार विद्‌यार्थ्यांक न्हय फकत ज्ञान आनी कुशळटाय दिवप, पुण विस्तृत पणान सांगपाचें जाल्यार कवळ्यां मनां-काळजांची सदगुणी आनी सकारात्मक मनशात जडणघडण करप, जी गुणसंपन्न आनी सलोख्याची जीण जगपाक शकतली.

हांव समस्त शिक्षकांक म्हजी परबीं भेटयता. तांच्या प्रयत्नांक लागून जबाबदार नागरीक घडटात, जे शक्य आसा ते प्रमाण देशाच्या कल्याणा खातीर काम करपाक तयार आसतात. हांव परत एक फावट समस्त शिक्षकांक समर्पण, निर्धार आनी जापसालदारकीच्या भावनेन देशाची सेवा करपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल म्हणटा.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/693
--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.